**5th January 2025** **Morning – 7.25am**

नमस्कार, आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या

प्रादेशिक खबरा

PM Delhi Project

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज दिल्लींत, 12 हजार 200 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या, जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी बुन्याद घालतले. साहिबाबाद आनी न्यू अशोक नगर हांचे मदल्या, दिल्ली-गाझियाबाद-मेरठ, नमो भारत मार्गाच्या 13 किलोमीटर लांबीच्या, सुमार चार हजार 600 कोटी रुपया मोलाच्या वाठाराचेंय, प्रधानमंत्री उक्तावण करतले अशें आमचो खबरकार सांगता.

St. Francis Xavier Last Day

सेंट फ्रान्सीस झेवीयर हांचे पवीत्र कूडीचे दर्शन घेवपाचो कालावधी आयज शनवारा सांजे सोपलो. फाल्या आयतारा सकाळी निमणी प्रार्थना सभा (सोलमन मीस ) जातली. लागी लागी 80 लाख भक्तांनी पवीत्र कुडीचे दर्शन घेतले, अशी म्हायती दवदर्शन सुवाळो समितीचे निमंत्रक फादर हेन्री फाल्काव हांणी दिली. आयतारा सकाळी साडेणव वराचेर सेंट फ्रान्सीस झेवीयर हांची पवीत्र कूड मिरवणुकीन सी कॅथेड्रल चर्चीतल्यान बॅसिलिका चर्चीत हाडटले. चर्चीचे फादर आनी काय वेंचीक लोकांकूच मिरवणुकीत वांटेकार जावपाक मेळटले. उपरांत आर्चबिशप फिलीप नेरी फेर्राव हांचे फुडारपणाखाला निमणी प्रार्थना सभा जातली. फाल्या कूडीचे दर्शन घेवपाक मेळचे ना. आयज सांजे दर्शना खातीरचो निमणो दीस आसलो.सेंट फ्रान्सीस झेवीयर पवीत्र कूड दर्शन सुवाळो दरेकी 10 वर्सांनी जाता. अंदू 21 नोव्हेंबर 2024 दिसा सुवाळ्याक सुरवात जाल्ली. शनवार मेरेन दर्शन घेवपी भक्तांचो आकडो 80 लाखांच्या फुडे गेला, अशें फादर हेन्री फाल्काव हांणी सांगलें. वील चेअर, बुगी तशेच रावपाची वेवस्था आसले कारणान अंदू गर्दी वाडली, अशें तांणी सांगलें.

Food & Cultural Festival

आके मडगाव हांगा चालू आशिल्ल्या तीन दिसांच्या गोंय अन्न आनी सांस्कृतिक महोत्सवाक लोकांचो बेस बरो प्रतिसाद मेळटा. ह्या महोत्सवाचे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी उक्तावण जाले. आयज ह्या महोत्सवाचो तीसरो दीस जावन आसा.

आकेच्या कॉस्ता मैदानाचेर चालू आशिल्ल्या ह्या महोत्सवाचे उद्घाटन करताना गोंयची पारंपारिक खाणां, ग्लोबल करपाखातीर तांकां पर्यटनांकडेन जोडपाची सरकारची येवजण आसा. गोंयची संस्कृती आनी गोंयची पारंपारिक खाणां पर्यटनाच्या माध्यमांतल्यान पुराय संवसारात पावोवपाखातीर अशा वेगवेगळ्या महोत्सवाचे गोंय सरकारावतीन आयोजन जाता अशें तांणी सांगलें.

ह्यावेळार पर्यटनमंत्री रोहन खवंटे, मडगावचे आमदार दिगंबर कामत, फातोड्डेचे आदले आमदार दामोदर नायक तसेच मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार हे हाजीर आशिल्ले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे ‘लोकल टू ग्लोबल’ हे स्वप्न आसा आनी पर्यटनाच्या माध्यमांतल्यान गोंय सरकार ते पुराय करपाक पळयता अशें डॉ. सावंत हांणी ह्यावेळार सांगलें. ह्या महोत्सवात वेगवेगळ्या प्रकारची खाणांची दालनां मांडिल्ली आसून ह्या महोत्सवात वेगवेगळ्यो सांस्कृतिक कार्यावळीय सादर जातात. फाल्या ह्या महोत्सवाचो निमाणो दीस आसतलो.

Market Action Vasco

नुस्त्या मार्केट सोडून बेकायदेशीर रित्या नुस्तें विकतल्या आड पालिकेची कारवाय चालूच उरतली म्हणपाची शिटकावणी मुरगांवचो नगराध्यक्ष गिरीश बोरकार हाणें दिल्या.

खारीवाडो वास्को वाठारान्त वेगवेगळ्या सुवातांनी बेकायदेशीर रित्या व्होलसेल नुस्तें विकतल्या आड आयज कारवाय करून पालिकेन नुस्तें ताब्यांत घेतलें. ह्या वेळार उलयताना नगराध्यक्ष बोरकार हाणें म्हळा, की व्होलसेलाच्या नावान बेकायदेशीर रित्या नुस्तें विकपाक सुरू केल्ल्यान नुस्त्या मार्केटान लोक वचपाचे

उणे जाल्या. हाका लागून मार्केटान सारको धंदो जायना अशी तांच्यो कागाळ्यो आसा. मेळत तशो गाडयो पार्क करून खारीवाडो वाठारान्त नुस्तें घेवप्या आड आरटीओ तशेंच ट्राफीक पुलासानीय कारवाय करीत जाल्यार बेकायदेशीर नुस्त्याचो धंदो आपसुकच बंद जातलो अशें उलोवन दाखयताना पालिकेची ही कारवाय हाचे फुडे अशीच चालू उरतली म्हणपाची म्हायती नगराध्यक्ष बोरकार हाणें दिल्या.

Chaturang Sammelan

चतुरंग प्रतिष्ठान ह्या संस्थेचे ३३ सावे चतुरंग रंगसमेलन फाल्यां सांजे फोंड्या राजीव गांधी कला मंदिरात जातले. ह्या वेळार मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या येजमानके खाला जावपी सुवाळ्यात 'नर्मदालय' संस्थेच्या संस्थापिका विशुद्धानंदा भारती ठाकूर हांका चतुरंग प्रतिष्ठानाचो जीणे गौरव पुरस्कार भेटयतले अशी महिती संस्थेच्या जाळवणदारांनी दिली. फाल्या सांजे ४ वरांचेर सुरू जावपी ह्या सुवाळ्याक मुखेलमंत्र्यांसयत मानाचे सोयरे म्हूण शास्त्रज्ञ रघुनाथ माशेलकर आनी येवकाराध्यक्ष म्हूण उद्देजक श्रीनिवास धेंपो हाजीर रावतले. फाल्याच्या चतुरंगी सुवाळ्यात 'अर्घ्य' हो शर्वरी जमेनीस आनी सहकलाकारांची नृत्याची कार्यावळ जातली उपरांत 'अद्वैता' - 'सात यात्री एक यात्रा' ही गायिका देवकी पंडीत आनी कवी वैभव जोशी हांची जोड कार्यावळ रसीकांक अणभवपाक मेळटली. ही कार्यावळ सगळ्यां खातीर उक्ती आसा अशें चतुरंग प्रतिष्ठानान कळीत केलां.

Shekoti Sammelan

बरें साहित्य तयार जातले जाल्यार नव्या साहित्यीकांनी नामनेच्या लेखकांचे साहित्य वाचपाची आनी अभ्यासपाची गरज आसा अशें वीजमंत्री सुदिन ढवळीकर हांणी सांगलें. ह्या तांत्रिक युगात भाषा समृद्ध करपाक तरनाटी पिळगी मुखार येवपाची गरज आसा अशेंय तांणी सांगलें. काल सांजे कोंकण मराठी परिशदेच्या १९ साव्या शेकोटी साहित्य संमेलनाचे उक्तावण करतकच ते उलयताले. फोंडेंच्या नागेश महारुद्र संस्थान प्राकारात हे दोन दिसांचे संमेलन सुरू जालां. नामनेचे

साहित्यीक 'नदीष्टकार' मनोज बोरगावकर हांणी ह्या संमेलनाची येजमानकी चलयली. नदिष्ट कादंबरी पुराय जिणेच्या अणभवार बरयल्या आनी हे करताना आमचे पारंपारीक गिन्यान दिसान दिस उणे जाता आशिल्ल्याचे जाणवले अशें प्रा. बोरगांवकार हांणी आपल्या अध्यक्षीय उलोवपात सांगलें. दोन दिसांच्या ह्या शेकोटी साहित्य समेलनांत काल सांजे 'जयवंत दळवी हांच्या साहित्याचेर समग्र चर्चा' ह्या विशयाचेर जाल्ल्या परिसंवादात प्रा. विनय बापट, अॅड. नार्वेकर आनी प्रा. कृष्णाजी कुलकर्णी वांटेकार जाले. ह्या संमेलनात आयज युवा सृजन संवाद , आगामी काळातील स्त्रिंयां पुढील आव्हाने , अशीं वेगवेगळ्या विषयांचेर चर्चा सत्रां जातली.

गोंय युवा महोत्सव कार्याध्यक्ष

कोंकणी भाशा मंडळ गोंय आयोजीत 26 व्या गोंय युवा महोत्सवाचे कार्याध्यक्ष म्हणून कलानंद उर्फ अनंत श्रीधर कामत बांबोळकार हांची निवड जाल्या. हो गोंय युवा महोत्सव 25 आनी 26 जानेवारीक नारायण झांटये वाणिज्य म्हाविद्यालय, दिवचल आनी युवा जैतीवंत, दिवचल पंगडाच्या जोड पालवान नारायण झांटये वाणिज्य म्हाविद्यालयांत जातलो. कोकणी चळवळीच्या सक्रीय कार्यकर्त्यां मदीं तांची वळख आसा, अशें कोंकणी भाशा मंडळान कळीत केलां.